आकाशवाणी, पणजी
प्रादेशीक खबरांपत्र
२० मे सकाळीं ७.२५

---------------------

सांवड्डें पूल कोसळून जाल्ले दुर्घटणेंत तिसरी कूड आयज सांजवेळा सांपडली. ते उपरांत हे दुर्घटणेंत उदकांन आडकून उरिल्ल्यांक सोदपा खातीर जी सोद मोहीम हातांत घेतिल्ली ती तात्पुरती बंद केल्या अशी म्हायती केपेचे उपजिल्हाधिकारी प्रशांत शिरोडकार हांणी दिली. काल रातीं पूल कोसळून जाल्ले दुर्घटणेंत उणेंच १० ते १५ लोक बुडल्यात असो अदमास उक्तायिल्लो. तातूंतल्यो दोग जाणांच्यो कुडी काल रातीं मेळिल्ल्यो. उरिल्ल्यांक भायर काडपा खातीर सकाळ सावन पसून सोद मोहीम सुरू जाली. उदकांत आडखळीतल्यांचो सोद घेवपा खातीर पुकांतल्यान खास नॅशनल डिजास्ट्रर रिस्पोन्स पंगडाच्या जवानांक आपयल्ले. आयज दनपारां तीन वरांच्या सुमाराक ह्या जवानांनी सोद मोहीम हातांत घेतली. सांजवेळा पांच वरांच्या सुमाराक बसप्पा संतोष वडार २६ वर्साच्या तरणाट्याची कूड मेळ्ळी. ह्या तरणाट्यान काल न्हंयत उडी घेवन जीव दिल्लो अशी म्हायती पोलिसां कडल्यान मेळ्ळ्या.

---------------------

जीएसटी म्हळ्यार वस्तू आनी सेवा कर परिशदेची दोन दिसांची बसका जम्मू काश्मीरांतल्या श्रीनगरांत जाली. उपरांत जीएसटीचे निश्चीत जाल्ले दर थारायले उपरांत केंद्रीय अर्थमंत्री अरूण जेटली हांणी हे विशीं म्हायती दिली. कांवसील भलायकी सेवा आनी शिक्षण ह्या क्षेत्राक ह्या करांतल्यान कुशीक काडल्यान. जीएसटी कराची विभागणी चार प्रकारांत केल्या. पयल्या प्रकरांतल्या सेवांक

पांच टक्के दुसऱ्या प्रकारांत १२ टक्के तर हेर १८ आनी २८ टक्के अशी विभागणी करताना ५ टक्के ट्रान्सपोर्ट सेवा मदीं माल रेल्वे आनी हवाई येरादारीचो आसपाव केला.

-----------------------

संवसारीक पर्यटन संस्था यूएनडब्ल्यूटी ओ हांणी जारी केल्ल्या सुदारीत पर्यटन वळेरेंत भारताची सुवात १६ क्रमांकांनी वयर पावल्या आनी भारत २०१४-१५ वर्साच्या क्रमवारीचे तुळेन २४ व्या सुवातीचेर पावला. संवसारीक पावंड्यार भारत २०१४-१५ वर्सा ४१ आनी ४० साव्या सुवातीचेर आशिल्लो अशें पर्यटन मंत्रालयान सांगलें. युएनडब्ल्यूटी ओ ही एकवटीत राष्ट्रसंघाची एजन्सी आनी ती पर्यटना विशींचे निरीक्षण करताना जापसालदार, शास्वत तशेंच सार्वभौमीक स्विकृतीचो आधार घेवन वळेरी जारी करता. हातूंत देशी आनी विदेशी पर्यटकांची भोवंडी आनी अनिवासीयांच्या भेटीचोय नियाळ घेवन ही श्रेणी थारायतात. भारताक आता मेरेन फकत विदेशी पर्यटकांच्या भेटीचो आंकडो घेवनच ही श्रेणी जाहीर जाताली. पूण आता भारतान अनिवासींची वळेरी हातूंत घालपाक सुरवात केल्या. हाका लागून भारताची ह्या वळेरींतली श्रेणी सुदारून खरें आनी तुळात्मक चित्र मुखार येवन यूएनडब्ल्यूटी ओन ताची दखल घेतल्या अशें पर्यटन मंत्रालयान म्हळां. फाटल्या वर्सां सावन भारतान पर्यटन मळार एक व्हड पावल मारताना यात्रा आनी पर्यटन स्पर्धात्मकता निर्देशांक टीटीसीआय २०१७ चे वळेरींतूय २०१५ वर्साचे तुळेन १२ सुवाती वयर उडी मारल्या. मजगतीं गोंयच्या पर्यटनाचो दर्जो असामान्य आसा आनी फाटल्या काय वर्सां सावन पर्यटनाचो प्रचार आनी प्रसार करपाक गोंय टुरिझमा वतीन केल्ल्या अथक यत्नांक येस मेळ्ळां अशें

पर्यटनमंत्री मनोहर आजगांवकार हांणी म्हळां. सैमीक सोबीतकाय, साहसी पर्यटन उपक्रम महोत्सव आनी सांस्कृतीक पर्यटनाची खोस घेवपाक पर्यटन वर्सुयभर गोंयांत येतात. ताका लागून गोंयांत ह्या सप्तकांत प्रदर्शीत जाल्ल्या गुगल इंडिया अहवालात भारतांतले सर्वाधीक पसंतीचे पर्यटन थळ हो भौमान मेळयला अशेंय पर्यटन मंत्र्यांनी म्हळां.

------------------

गोंय सरकारच्या अन्न आनी वखदां प्रशासनालयाक मानाचो सेफ ॲन्ड न्युट्रिनल फूड अँबेसीडर अवार्ड हो पुरस्कार फावो जाला. हालींच नवी दिल्लींत जाल्ल्या सुवाळ्यांत हो पुरस्कार अन्न आनी वखदां प्रशासनाचे संचालक सलीम वेलजी हांणी स्विकारलो. ह्या प्रशासनालयाचे कर्मचारी आनी अधिकारी प्रामाणीकपणान काम करतात हो पुरस्कार म्हळ्यार तांच्या कामाची पावती अशी भावना वेलजी हांणी ह्या वेळार उक्तायलो.

राज्यांतल्या नागरिकांक सुरक्षा आनी सकल अन्न मेळचे हाका लागून हें प्रशासन जागृतपणान काम करता. भेसळयुक्त आनी खराब खाद्यपदार्थ लोकां मेरेन पावचे न्हय देखून वेळोवेळ छापे घालून तपासणी करतात अशेंय वेलजी हांणी सांगलें.

-------------------